# <u>कर्णबधीरांच्या कल्याणाखातीर सरकार खास लक्ष दितले- मुख्यमंत्री</u>

ता. 2 डिसेंबर 2019

राज्यातल्या कर्णबधीर लोकांच्या कल्याणा खातीर सरकार खास लक्ष दितले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज रविंद्र भवन मडगांव हांगा डिफ लिडर फाऊंडेशन, डिफ कॅन फाऊंडेशन, भोपाल हांणी आंतरराष्ट्रीय मनीस हक्क संघटनेच्या जोडपालवान आयोजीत चार दिसांच्या इंटरनॅशनल डिफ समिट 2020 च्या उकतावण कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

कार्यक्रमाक विरोधी नेते श्री. दीगंबर कामत, आंतरराष्ट्रीय मनीस हक्क संघटनेचे डॉ. जी. गोपीकृष्णा, श्री. नवनाथ खांडेपारकर, रजनी गोपालकृष्ण, श्रीमती संगीता गाला, अलोक केजरीवाल, संजय कुमार आनी हेर प्रतिनीधीं ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

कर्णबधीर समिट गोंयांत आयोजीत केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यान आयोजकांचे अभिनंदन केले आनी विशेश भुरगीं आनी कर्णबधीर लोकांक उच्च शिक्षण सुविधां आनी संघटनेन केल्ल्या हेर मागण्यांकडेन लक्ष दिवपाचे उतर दिले.

संघटनेच्या प्रतिनिधीनी ह्या वेळार कर्णबधीर लोकांचे पुर्नवसन, रोजगार, तांचे हक्क आनी तांच्या कल्याणाविशींचे प्रस्न मांडले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/09

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA